Akashwani Panaji reg news 7.25 am 25th feb 2026

Rashmi 72

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी बायलां आनी भुरगीं उदरगत खात्यान फोंण्या म्हालित ‘गृह आधार’ खातीर आयोजीत केल्ल्या खाशेल्या शिबिराचें उक्तावण केलें.जिवीत आशील्ल्याचे प्रमाणपत्रां, उत्पन्न प्रमाणपत्रां, आधार कार्ड लिंन्क करपाक तंत्रिक कारणाखातीर सुमार 2000 लावार्थ्यांक वितरण बंद जाल्लीं प्रलंबीत केशीं सोडोवपाक हे खाशेलें शिबिर घडोवन हाडलां अशें मुखेलमंत्र्यान म्हळे.बायलांनी तांचे कागदपत्र घेवन येवचें आनी ह्या शिबिराचो लाव घेवचो अशें आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान केलें .

Rashmi andolan 94

जो मेरेन सरकार नगर नियोजन कायद्याचे कलम 39 (a )रद्द karना तो मेरेन आंदोलन फाटी घेवचे ना, अशें Revolutionary Goans पक्षाचे सांत आंद्रेचे आमदार विरेश बोरकार हांणी म्हणला. मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मंगळार तीनसांजेर आझाद मैदानाचेर भेट घेवन आंदोलन फाटी घेवपाची विनंती केली आनी विधानसभेंत ह्या विशयाचेर चर्चा करूंया अशें म्हणले.मात बोरकार हांणी कलम रद्द जायना तो मेरेन उपोशण सुरूच उरतलें. मंत्रीमंडळान बेगोबेग बसका आपोवन तरतूद रद्द करपाचो थाराव घेवचो, अशें सांगून अ‍ॅडव्होकेट जनरलान न्यायालयांत प्रतिज्ञापत्र दाखल करपाची मागणी तांणी केल्या. मागणी पुराय जाली ना जाल्यार व्हड आंदोलन करपाची शिटकावणी तांणी दिली.

Rashmi /ganesh 114

पणजी महापालिका वेंचणुके खातीर उमेदवारी अर्ज भरपाक आयज निमाणो दीस आशिल्लो. आतां मेरेन ३० प्रभागां खातीर ७८ उमेदवारांनी अर्ज दाखल केल्यात. प्रभाग नंबर २६त सगल्यांत चड ५ उमेदवार इत्सूक आसात. अर्ज फाटीं घेवपाची निमाणी

मुजत २६ फेब्रुवारीक दनपरां ३ वरां मेरेन आसा.महापालिका वेंचणुके खातीर मतदान ११ मार्चाक जातलें. जाल्यार १३ मार्चाक निकाल लागतलो.वेंचणुकेंत भाजपाक समर्थन करपी मंत्री बाबुश मोन्सेरात हांचें पॅनल आनी उत्पल पर्रीकार हांच्या आमी पणजेकार हांच्या पॅनला मदीं सरळ लडत जातली.

Prasad pai 67
स्वामी विवेकानंद विद्याप्रसारक मंडळ बोरी हांच्या केजी आनी प्राथमीक शाळेंत हालींच कलानंद प्रदर्शन व्हड उमेदीन जालें.ह्या प्रदर्शनांत वर्ग 1 ते 4 मेरेनच्या भुरग्यां खातीर पूर्वनियोजीत प्रकल्प आसतात. माती, ओरिगामी, चित्रकला, हस्तकला हांकां लागून भुरग्यांचे कल्पनेक आनी सृजनशीलतेक वाव मेळटा. भुरग्यांक तांच्या विचारांची जाणविकाय जाता. शिक्षकांच्या मतान ओरिगामी, माती, हस्तकला, चित्रकला हीं फकत मनरिजवणेचीं साधनां न्हय, तर भुरग्यांच्या बौध्दिक, शारिरीक आनी भावनिक विकासाखातीर तीं खूब उपेगी पडटात.

200rashmi /ganesh
स्टार्ट अप धोरण, शिक्षणीक सुविदा आनी तरेकवार उपक्रमाक लागून विद्यार्थी तशेच तरणाट्यांक करीयर करपाची सगळ्यात चड संद गोंयांत आस. गोंय हे देशातले सर्वोत्तम इनोवेशन हब जातलें, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.ताळगाव डॉ. श्यामाप्रसाद मुखर्जी स्टेडियमाचेर मंगळारा कॉन्वर्ज 3.0 परिशदेचे उक्तावण जाले. हे वेळार मुखेलमंत्री उलयताले. हे परिशदेत विद्यार्थी तशेच उद्येजक वाटेकार जाल्या.गोंयांत नामनेच्यो शिक्षण संस्था आसा. म्हाविद्यालयां तशेच विद्यालयांनी सगळ्याे सुविदा उपलब्ध आसा. हे भायर स्टार्ट अप धोरण तयार जालां. कुशळटाय प्रशिक्षणा सयत तरेकवार अभ्यासक्रम उपलब्ध आसा. हाका लागून नोकरे सयत स्टार्ट अप सुरू करप शक्य आसा. गोंय भारताची innovation capital राजधानी जावंक जाय अशें मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

Imd 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान 33 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे 26 औंश सेल्सिअस नोंद जाला.

Sports 23

गोय विद्यापीठाच्या आंतर महाविद्यालयीन दादल्यांच्या हॉकी सापर्डेत म्हापशाच्या st xaviers महाविद्यालय विजेते जाले.